# <u>नागरिकांची सनद</u>


राजभाशा संचालनालय

गोंय सरकार

1ली लिफ्ट, 5 वो माळो, जुन्ता हावस,

पणजी- गोंय

फोन क्र.: 0832-2420071/2420179 फॅक्स: 0832-2420071

वॅबसायट: **www.dol.goa.gov.in**

ई-मेल: **dir-dol.goa@nic.in,**

**official.language09@gmail.com**

## वळख

राजभाशा संचालनालय हें गोंयची राजभाशा आनी गोंयांत प्रचलीत आशिल्ल्या हेर भाशांच्या विकासा खातीर राज्य सरकारान सुरू केल्ल्या यत्नांचें फळ आसा. थळाव्या भाशांचें म्हत्व मतींत घेवन, राज्य विधानसभेन गोंय, दमण आनी दीव राजभाशा अधिनेम, 1987 पारीत केलो, जातूंत अशें म्हणलां, "देवनागरी लिपयेंतली कोंकणी भास" ही राज्याची राजभाशा आसतली आनी ह्या अधिनेमांत मराठी भाशे खातीर तरतूद आशिल्ल्यान, सगळया वा खंयच्याय कार्यालयीन कामा खातीर तिचो वापर करूं येता.

वर्स 2004 त सरकारान, गोंय राजभाशा अधिनेम 1987 ची अंमलबजावणी करपाचे जापसालदारकी सयत सरकारान स्वतंत्र अर्थसंकल्पीय माथाळो दिलो. सध्याक, राजभाशा संचालनालय राज्यांत प्रचलीत आशिल्ल्या भाशांचे उदरगती खातीर विविध येवजण्यो राबयता.

हें खातें राबयता ते सगळे उपक्रम आनी सेवांचो मुख्य भाग हो सरकारी खातें वा सरकारी कर्मचारी आनी सरकारान स्थापन केल्ल्या स्वायत्त संस्थां खातीर आसा. राजभाशा संचालनालय हें कोंकणी भाशेंत तकनिकी शब्दावली तयार करप, संशोधन उपक्रम आनी हेरां खातीर गरजे प्रमाणें राजभाशा आनी हेर थळाव्या भाशांच्या विकासा खातीर विविध येवजण्यो, प्रशिक्षण चालू करून  आपल्या कार्यक्षेत्राचो विस्तार करीत आसा.

## लक्ष्य आनी ध्येय

a) राजभाशा अधिनेम, 1987 ची अंमलबजावणी.

b) प्रशासनांत तशेंच ज्ञानाच्या हेर क्षेत्रांनी राजभाशेचो चडान चड वापर जावचो हे खातीर उपाय करप.

c) कार्यशाळा, परिसंवाद, संगोष्ठी आनी हेर विविध येवजण्यां वरवीं प्रशिक्षण दिवप.

d) कोंकणी आनी मराठी भाशांच्या प्रसारा खातीर आनी विकासा खातीर सरकारी/ निम्नसरकारी कर्मचाऱ्यांक संगणकाचेर देवनागरी टंकलेखनाचें प्रशिक्षण दिवप.

e) भारत सरकाराच्या नवी दिल्ली हांगासल्ल्या विज्ञानीक आनी तंत्रीक शब्दावली आयोगाचे (CSTT-New Delhi) मजतीन कोंकणी भाशेंत विविध शब्दावली निर्माण करप.

## *पुरवण केल्ल्या सेवांचो तपशील*

1. सरकारी खात्यांतल्यान प्राप्त जाल्ल्या विविध प्रकाराच्या दस्तावेजांचें भाशांतर.
2. सरकारी कर्मचाऱ्यांक राजभाशेंतल्यान प्रशिक्षण दिवप.
3. सरकारी कर्मचाऱ्यांक संगणकाचेर देवनागरी टंकलेखनाचें प्रशिक्षण दिवप.
4. विज्ञानीक आनी तंत्रीक शब्दावली आयोगाचे (CSTT) सहकारान वेगवेगळ्या विशयांचे विविध शब्दावली निर्माण करप.
5. राजभाशेची प्रभावी अंमलबजावणी खातीर विविध येवजण्यो तयार करप आनी तांची अंमलबजावणी करप.
6. राजभाशा अधिनियमाची प्रभावी अंमलबजावणी खातीर कार्यशाळेचें/ परिसंवादांचें आयोजन करप.
7. कोंकणी आनी मराठी भाशांचे उदरगती खातीर गोवा कोंकणी अकादेमी आनी गोवा मराठी अकादमी ह्या सरकारान स्थापन केल्ल्या संस्थांक आवर्ती अनुदान दिवप.
8. कोंकणी भाशेच्या प्रसारा खातीर कार्य करपी अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, कोंकणी भाशा मंडळ आनी दाल्गाद कोंकणी अकादेमी ह्या सारक्या बिगर-सरकारी संस्थांक आदारुपी अनुदान दिवप.
9. सगळ्यो सरकारी वॅबसायटी भोव-भाशीक (कोंकणी, मराठी, इंग्लीश भाशेंत) करपा खातीर भाशांतर सेवा दिवप.
10. विविध फलक, नामफलक, चिन्न फलक आनी हेरांचें कोंकणी आनी मराठींत भाशांतर करप.

## *संस्थात्मक तकटो (मंजूर संख्याबळ)*

संचालक, राजभाशा
(खातें प्रमुख)

उपसंचालक (राजभाशा)
(कार्यालय प्रमुख)

कनिश्ठ लघुलेखक 01

**कोंकणी विभाग**

1. वरिश्ठ भाशांतरकार (कोंकणी) 01 पद
2. कनिश्ठ भाशांतरकार (कोंकणी) 08 पदां

**मराठी विभाग**

1. वरिश्ठ भाशांतरकार (मराठी) 01 पद
2. कनिश्ठ भाशांतरकार (मराठी) 08 पदां

**प्रशासन/लेखा विभाग**

1. मुख्य कारकून 01 पद
2. कनिश्ठ लघुलेखक 01पद
3. वरिश्ठ कारकून 01 पद
4. कनिश्ठ कारकून 04 पदां
5. चालक 02 पदां
6. शिपाय 03 पदां

**भाशा संशोधन विभाग**

1. सहायक संचालक (संशोधन आनी प्रशिक्षण) - 01 पद
2. भाशा संशोधन अधिकारी (शिक्षणीक) (कंत्राटी पद्धतीचेर) - 01 पद
3. भाशा संशोधन सहायक (शिक्षणीक) (कंत्राटी पद्धतीचेर) - 02 पदां
4. संगणक विश्लेशक (तंत्रिकी) (कंत्राटी पद्धतीचेर) - 01 पद
5. कनिश्ठ भाशांतरकार (हिंदी) - 01 पद

## *राबयिल्ल्यो येवजण्यो*

1) **राजभास प्रशिक्षण येवजण (प्लॅन):**

हे येवजणे खाला सरकारी कर्मचाऱ्यांक, कार्यालयांतलें दीसपट्टें कामकाज राजभाशेंतल्यान करूंक सोंपें जावचें म्हणून प्रशिक्षण दितात.

2) **"आमचो गांव, आमची परंपरा, आमचें दायज"**

हे येवजणे खाला गोंयची संस्कृती, परंपरा, विधी, वारसो, समाजीक-भाशीक आनी हेरां कडेन संबंदीत विशायां वयलीं पुस्तकां बरोवपी वा भाशांतरीत करपी, देवनागरी लिपी वापरून बरयिल्ली कोंकणी आनी मराठी भाशांचे ग्रंथकर्ते/लेखक /भाशांतरकारांक अर्थीक मजत/ सहाय्य पुरवण करपाचो राजभाशा संचालनालयाचो विचार आसा. प्रस्ताव दिवपा खातीर, थळाव्या दिसाळयांनी जायराती दिवन इत्सूक अर्जदारा कडल्यान अर्ज मागयतात.

3) **भाशा पुरस्कार येवजण (प्लॅन):**

भाशा विद्वानांच्या गुणात्मक कार्याक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान हे येवजणेची रचणूक केल्या. कोंकणी, मराठी आनी संस्कृत भाशांच्या हिता खातीर आपली कारकीर्द समर्पीत केल्ल्या व्यक्तींक मानधन, प्रमाणपत्र, यादस्तीक दिवन सन्मानीत करप हो, हे येवजणेचो हेतू आसा. दर वर्सा, पात्र अर्जदारां कडल्यान अर्ज मागयतात. भाशा पुरस्कार सकयल्या प्रमाणें भेटयतातः

(अ) संस्कृत भाशे खातीर दुर्गाराम उपाध्ये संस्कृत भाशा पुरस्कार,

(आ) कोंकणी भाशे खातीर ज्ञानपीठकार रविंद्र केळेकार कोंकणी भाशा पुरस्कार,

(इ) मराठी भाशे खातीर बा. द. सातोस्कर मराठी भाशा पुरस्कार.

4) भाशा विकास येवजण (प्लॅन) :

हे येवजणे खाला, कोंकणी, मराठी आनी संस्कृत भाशांचे उदरगती खातीर कार्यशाळा, संमेलन कार्यावळी आनी हेर साहित्यीक कार्यावळींचें आयोजन करपा खातीर साहित्यीक संस्था आनी शिक्षणीक संस्थांक अनुदान दितात. दिसाळयांनी जायरात दिवन, पात्र संस्थां कडल्यान अर्ज मागयतात.

5) राजभाशा जागृती येवजण (प्लॅन) :

प्रशासन आनी शिक्षणीक क्षेत्रांत राजभाशेचे उदरगती खातीर विविध कार्यावळी, कार्यशाळा, व्याख्यानां आनी हेर घडोवन हाडप हो हे येवजणेचो मुखेल हेतू आसा. राजभाशा संचालनालया वरवीं हे येवजणेची थेट अंमलबजावणी जाता. हे येवजणे खाला साहित्यीक/ शिक्षणीक संस्थांच्या सहकार्यान राजभाशेक चालना दिवपी कार्यक्रम आयोजीत करतात. हातूंत कसलेंच अनुदान दिनात पूण खर्च राजभाशा संचालनालय करता.

## *कागाळ निवारण यंत्रणेचे तपशील*

भौशीक कागाळ अधिकारी

| अनु. क्र. | भौशीक कागाळ अधिकारी म्हणून नियुक्त केल्ल्या अधिकाऱ्याचो हुद्दो | टपाल पत्तो | फोन क्र |
|---|---|---|---|
| 1. | उपसंचालक (राजभाशा) | जुन्ता हावस, 1 ली लिफ्ट,<br>5 वो माळो, पणजी, गोंय<br>पिन- 403001. | 2420179/<br>2420071 |

माहिती हक्क अधिनेम, 2005 खाला नियुक्त केल्ले अधिकारी

| अनु. क्र. | भौशीक माहिती अधिकारी म्हणून नियुक्त केल्ल्या अधिकाऱ्याचो हुद्दो | टपाल पत्तो | फोन क्र | एका परस चड पीआयओ आसल्यार क्षेत्र/ उपक्रमांचें सिमांकन |
|---|---|---|---|---|
| 1. | उपसंचालक (राजभाशा) | जुन्ता हावस, 1ली लिफ्ट, 5वो माळो, पणजी, गोंय पिन-403001. | 2420179/ 2420071 | पणजी |

| अनु. क्र. | पालवी भौशीक माहिती अधिकारी म्हणून नियुक्त केल्ल्या अधिकाऱ्याचो हुद्दो | टपाल पत्तो | फोन क्र | एका परस चड पीआयओ आसल्यार क्षेत्र/ उपक्रमांचें सिमांकन |
|---|---|---|---|---|
| 1. | मुख्य कारकून | जुन्ता हावस, 1ली लिफ्ट, 5वो माळो, पणजी, गोंय पिन-403001. | 2420179/ 2420071 | पणजी |
| 2. | वरिश्ठ कारकून | | | |
| 3. | कनिश्ठ भाशांतरकार (कोंकणी) | | | |
| 4. | कनिश्ठ भाशांतरकार (मराठी) | | | |

| अनु. क्र. | प्रथम अपिल प्राधिकारी म्हणून नियुक्त केल्ल्या अधिकाऱ्याचो हुद्दो | टपाल पत्तो | फोन क्र | ई-मेल पत्तो |
|---|---|---|---|---|
| 1. | राजभाशा संचालक | जुन्ता हावस, 1ली लिफ्ट, 5वो माळो, पणजी, गोंय पिन-403001. | 2420179/ 2420071 | 1. official.language09@gmail.com<br>2. dir-dol.goa@nic.in |